प्रादेशिक खबरो   ३००८२०२५ @ ७.20 pm

2025-26 च्या पयल्या तिमाहींत भारताच्या जीडीपी वाढीन खऱ्यांनीच अजापीत केला, आणि ७.८ टक्के हो पाच तिमाहींतलो उच्चांक गाठला अशे मत GCCIची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हानी उक्ताय्ला

संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत पयल्या तिमाहींत भारताची जीडीपी विकासदर 7.8% ही लवचीकतेचे 'खूब बरी आनी अनपेक्षित" लक्षण' अशें GCCI चेपर्यटन समितीचे अध्यक्ष निलेश शाह हांणी म्हणला

राष्ट्रीय खेळां दीस 2025 उत्सवाचो एक भाग म्हूण आयज दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर फिट इंडिया मिशनाच्या खाला बॅडमिंटन सर्त आयोजीत केल्ली.

आंतरराष्ट्रीय व्हेल शार्क दिसा निमतान गोंयचे दर्यादेगेर वाइल्डलायफ ट्रस्ट ऑफ इंडिया, गोवा रान विभाग, नुस्तेमारी खातें आनी ओरेकल इंडिया हांचे वांगडा व्हेल शार्क संवर्धन प्रकल्प सुरू केलो

महेश 190

2025-26 च्या पयल्या तिमाहींत भारताच्या जीडीपी वाढीन खऱ्यांनीच अजापीत केला, आणि ७.८ टक्के हो पाच तिमाहींतलो उच्चांक गाठला ही घटमुट वाड क्षेत्रांतल्यान बऱ्या कामगिरीक लागून जाली. 2026 वर्साच्या पयल्या तिमाहींत उत्पादनांत 7.7 टक्क्यांनी वाड जाल्या, जी फाटल्या तिमाहींत 4.8 टक्के अशिल्ली

2026 वर्साच्या पयल्या तिमाहींत बांदकामांत 7.6 टक्क्यांनी वाड जाली आनी ताका लागून एकंदर वाढीक  हातभार लागलो. अर्थीक सेवा 9.5 टक्क्यांनीवाढल्या आनी वेपार, हॉटेलां, येरादारी आनी संचारणांत 8.6 टक्क्यांनी वाड जाल्या. शेतकी मळार 3.7 टक्क्यांनी वाड नोंद जाल्या, जी 2025 वर्साच्या पयल्या तिमाहींत नोंदयल्या 1.5 टक्क्यां परस चड आसा.हालींच अमेरिकेन

भारतीय निर्यातीचेर 50% शुल्क लादले तरी भारताची वाड पुराय वर्सा सरासरी सुमार 6.5% जावपाची शक्यताय आसा. एक अंकाची जीडीपी वाड चड प्रमाणांत कॉर्पोरेट उत्पन्नांत 11-13% विस्ताराक समर्थन दिता. भारताची मॅक्रो ताकद इक्विटी बाजारपेठेच्या दृष्टिकोनाक एक मजबूत बुन्याद प्रदान करता.भारताची अर्थीक गती प्रभावी थारता, तातूंतल्यान ताच्या मूलभूत तत्त्वांची ताकद दर्शयता . आमच्या सेवा क्षेत्राची स्थिर कामगिरी, वाडपी शेतकी उत्पन्न आनी देशांतर्गत वापरात तीक्ष्ण वाढ हाका लागून पुराय विकासाक चालना मेळता. अमेरिकेच्या हालींच्या दरवाडीच्या घोशणां सयत जागतीक स्तरार अडचणी आसून लेगीत गोंयांतली सर्वोच्च उद्देगीक संस्था म्हूण भारत प्रगती आनी लवचिकतेच्या अनुकरणीय मार्गाचेर चालू उरतलो असो आमकां विस्वास आसा अशे मत GCCIची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हानी उक्ताय्ला. Byte

GDP 150

संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत पयल्या तिमाहींत भारताची जीडीपी विकासदर 7.8% ही लवचीकतेचे ‘खूब बरी आनी अनपेक्षित" लक्षण’ अशें गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीचे पर्यटन समितीचे अध्यक्ष आनी गोवा ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशनाचे आदले अध्यक्ष निलेश शाह हांणी सांगलें. येवपी तिमाहींत ही गती तिगोवन दवरप आव्हानात्मक आसूं येता, पूण चालू आशिली जीएसटी सुदारणा आनी सरकारी उपाय गती तिगोवन दवरपाक मदत करूंक शकतात अशें तांणी नदरेक हाडलें. फाटल्या वर्सा ह्याच तिमाहींत 6.5 टक्क्यांनी वाड जाल्ल्याचें शाहा हानी सांगले, जाका लागून सध्याचे आंकडे उत्साहवर्धक आसात. ह्या म्हयन्यांत अमेरिकेचे शुल्क लागू जाल्ल्यान ताचे कांय परिणाम जातले, पूण सरकारान हुशारीन संघर्षाची पद्दत टाळ्ळ्या आनी वाड तिगोवन दवरपा खातीर वावुरता अशें तांणी नदरेक हाडलें.जानेवारी ते जून ह्या काळांत गोंयांत विक्रमी पर्यटक येवपाक लागले, जरी पावसाळ्यांत आनी गणेश चतुर्थीच्या काळांत पर्यटकांचो आंकडो उणो जालो अशें तांणी सांगलें. परिस्थिती सकारात्मक आसा, परकी पर्यटक येवपाचेय प्रमाण वाडत आसा अशें तांणी

सांगलें. धोरणात्मक पाठबळ वाडोवपाचो उलो मारून शाहा हानी पर्यटनाक अर्थसंकल्पीय वाटप वाडोवपाची गरज उक्तायली.

सुशांत 100

राष्ट्रीय खेळां दीस 2025 उत्सवाचो एक भाग म्हूण आयज दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर फिट इंडिया मिशनाच्या खाला बॅडमिंटन सर्त आयोजीत केल्ली. ह्या वेळार केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हे मुखेल सोयरे म्हणून हाजिर आसले. भलायकी, फिटनेस, आनी अधिकाऱ्यां मदीं इश्टागत वाडोवपाच्या हेतान  दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी, दक्षिण गोंय  पोलिस आनी खेळां खात्यान जोड पालवान  ही कार्यावळ घडोवन हाडली.

ह्या वेळार दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एगना क्लीटस, दक्षिण गोय पुलीस अधीक्षक  टिकम सिंग वर्मा, आनी  हेर मानेस्त  हाजीर आशिल्ले. सर्तींत सरकारीअधिकाऱ्यांनी उमेदीन वांटो घेतलो, ताका लागून फिटनेस, निरोगीपण आनी एकठांय रावपाची भावना आनीक घट जाली अशे ह्यावेळार मंत्री श्रीपाद नाईक हाणी म्हळे.

रश्मी  110

आंतरराष्ट्रीय व्हेल शार्क दिसा निमतान गोंयचे दर्यादेगेर वाइल्डलायफ ट्रस्ट ऑफ इंडिया, गोवा रान विभाग, नुस्तेमारी खातें आनी ओरेकल इंडिया हांचे वांगडा व्हेल शार्क संवर्धन प्रकल्प सुरू केलो.संवर्धन घटमूट करपा खातीर रान खात्याच्या अधिकारक्षेत्रांतल्या वन्यजीव संरक्षण कायदो, 1972 च्या अनुसुची 1 खाला संरक्षित केल्ल्या व्हेल शार्क आनी हेर धोक्यांत आशिल्ल्या जातींचो सोद घेवपी व्यक्तींक 75 हजार रुपया इनाम दितले. आदल्या काळार मुखेल पणान वावुरलेले  फ्रांसिस फर्नांडीस (पेले) परत एक पावटीं ह्या मोहिमेत नुस्तेमारी समाजाक मार्गदर्शन आनी शिक्षण दिता. दर्या जीव संरक्षणाखातीर प्रा. बी.सी. चौधरी यांच्या अध्यक्षतेखाला  एक समिती स्थापन करपाचो  निर्णय घेतला

जातून तज्ञांचो समावेश आसा .विवेक मेनन, प्रवीण कुमार राघव, शमिला मोंतेरो हांचे वांगडा ही समिती फकत व्हेल शार्कांचीच न्हय तर सगळ्या दर्यांतल्या जातींच्या संरक्षणा खातीर म्हत्वाचे निर्णय घेतली.

PIB 120

दक्षिण आशियांतलो सगळ्यांत व्हडलो चित्रपट बाजार आनी भारताच्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट उद्देगाचो एक मुखेल भाग आशिल्ल्या वेव्स फिल्म बाजारान 'को-प्रोडक्शन मार्केट' (फिल्म प्रकल्पां खातीर वेगवेगळ्या देशांतल्या निर्मात्यांक जोडपी माची) च्या 19व्या आवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात. ही कार्यावळ 20 ते 24 नोव्हेंबर 2025 मेरेन गोंयच्या मॅरियोट रिसॉर्टांत जातली.

भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी वांगडाच जावपी फिल्म बाजाराक आतां "वेव्स फिल्म बाजार" अशें नांव दिलां. भारताक सामुग्री, सृजनशीलताय आनी सह-निर्माणाचें जागतीक केंद्र करपा खातीर धोरणात्मक दृष्टिकोनाचा हो एक भाग. वेव्स फिल्म बाजाराचें मुखेल आकर्शण आशिल्लें को-प्रोडक्शन मार्केट अंदूय फिचर फिल्म आनी डॉक्युमेंटरी प्रकल्पां खातीरय प्रस्ताव मागयता. 2007 वर्सा सुरू जाले उपरांत ह्या माचयेक लागून चित्रपट निर्मात्यांक कला आनी अर्थीक आदार मेळोवपाच्यो वेचीक संदी मेळ्ळयात. संवसारभरांतल्या चित्रपट वेवसायिकांक एकठांय हाडप, आंतरराष्ट्रीय भागीदारी तयार करप आनी सह-निर्माणांक चालना दिवप हो बाजारपेठेचो हेत आसा.

सुशांत 80

विजेचो शॉक लागून रिवण हांगा राजेंद्र गावकार आणि मोहनदास गावकर ह्या दोन भावांक दुखेस्त मरण आयिल्ले . आज दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस हाणी तांच्या घरा भेट दिवन तांका सात्व्ना दिली. मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे वतीनय ताणी या कुटुंबाक सात्व्ना दिली. आणि प्रशासन तांका सगळो आधार दितले अशें उतर दिले.२७ ऑगस्ट या दिसा गोरवांक तण हाडचे खातीर हे दोनूय भाव रानात गेल्ले तेन्ना ही दुर्घटना घडिल्ली.ह्यावेळार

थळावे जिल्हा पंचायत वांगडी सुरेश केपेकार तशेच केपेचे मामलेदार नाथन आफोंसो हेय हाजीर आसले.

Subhash 110

उच्च माध्यमिक पांवडयार शिकपी विद्यार्थ्यांक कंपनी सचिव अभ्यासक्रमाची म्हायती जावची म्हूण ICSI ही भारतांतली कंपनी सचीव संस्था वेगवेगळे उपक्रम आखता.

विद्यार्थ्यांक तांची शिक्षणीक कुशळटाय वाडोवपाक आनी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार आपल्या वांगड्या कडेन सर्त करपाक मदत करपा खातीर CBSE, ICSE , राज्य मंडळां, IB,IGCSE , ISC आदी सगळ्या परीक्षा मंडळां खातीर ११ आनी १२ वेच्या विद्यार्थ्यां खातीर आतां कंपनी सचीव संस्थेन कॉमर्स ऑलिंपियाड २०२५ सर्त आयोजित केल्या. ही परिक्षा पालकांच्या देखरेखी खाला स्मार्टफोन/लॅपटॉप वा पीसी वापरपी विद्यार्थी, घरांतल्यान दिवक शकतात. ICSI कॉमर्स ऑलिंपियाड २९ नोव्हेंबर क सांजवेळा ५ ते सांजवेळा ८ वरा मेरेन जातली.

स्पोर्ट्स 50

पर्येच्या श्री भुमिका उच्च माध्यमीक विद्यालयाच्या पंगडान खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ली 19 वर्सां पिराये सकयली राज्य पांवड्या वयली ज्युडो सर्त सेगीत तिसरे खेपे जिखली.

एफसी शिवोलीन मॅन्शन हावस आंतरगांव फुटबॉल सर्तीचे सेमी फायनलींत सुवात मेळयली. कुंकळ्ळीं शाळेच्या खेळां मैदानाचेर जाल्ले मॅचींत ताणें सां जुझे दी आरियल स्पोर्ट्स क्लबाक सडन डॅथांत 8-7 अशा फरकांनी हारायलो.

IMD 200

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 24.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 26.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता ९७ टक्के आसा. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला